**गोंय कृशी महाविद्यालयान वर्सुकीं दीस मनयलो**

ता. 19 मे 2023

गोंय कृशी महाविद्यालयान काल आपलो पयलो वर्सुकीं दीस मनयलो. वर्सुकीं दिसा निमतान महाविद्यालयान 'ऍग्री फिएस्टा 2023' चे आयोजन केल्ले.

कृशी संचालनालयाचे संचालक श्री नेव्हिल अफॉन्सो हांणी कार्यक्रमात उलयताना गोंय कृशी महाविद्यालयातल्यान हुशार आनी प्रतिभावान कृशीतज्ज्ञ निर्माण करप आनी तांचे कडल्यान राज्य आनी देशात कृशी क्षेत्राच्या विकासाक सेवा आनी योगदान मेळचें हो कृशी महाविद्यालयाचो उद्देश आशिल्ल्याचे सांगलें. महाविद्यालयात आवश्यक साधनसुविधा उपलब्ध करून हे महाविद्यालय प्रगत आनी सुसज्ज करपाखातीर सरकाराचे यत्न आसात आनी एक भाग म्हूण फुडल्या म्हयन्यात महाविद्यालयाच्या प्रशासकीय इमारतीची पायाभरणी करपात येतली, अशें तांणी सांगलें.

महाविद्यालयाचो उद्देश पूर्ण करपा खातीर महाविद्यालयाचे शिक्षक आनी प्रशासकीय कर्मचारी कश्ट घेतले, अशी आस्त व्यक्त करून मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणाखालच्या सरकारा कडल्यान संस्थेक सगळें तरेचे सहकार्य मेळटा ,अशेंय तांणी सांगलें. महाविद्यालयाक बऱ्या फुडाराची परबीं भेटयताना श्री अफोंसो हांणी लवकरच कांय दिसांनी आयोजीत करपात येवपी मेगा कृशी प्रदर्शनाचे साक्षीदार जावपाक कर्मचारी आनी विद्यार्थ्यांक आमंत्रीत केले.

गोंय कृशी महाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. सिरेश कुंकळकर हांणी येवकाराचे उलवप केले.

सहाय्यक कृशी संचालक (प्रशासन) श्री दत्तू देसाय, सहाय्यक संचालक श्री अनिल नोरोन्हा, सल्लागार GCA, डॉ. प्रवीण भेंडे आनी हेर अधिकारी, पालक आनी विद्यार्थी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

प्रा. सुमेधा प्रभू हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले जाल्यार सांस्कृतिक कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन कु. श्रुती नाईक आनी कु चेनोआ कुतिन्हो हांणी केले.

सरचिटणीस श्री.कृष्णा गवस हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/425

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.